Regional news 18.08.2025 @ 7.25 am

प्रेस नोट 300

गोंय राज्य चित्रपट महोत्सव 2025 च्या 10 व्या , 11 व्या आनी 12 व्या आवृत्तीचो समारोप काल कला अकादेमींत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, शिवोली मतदारसंघाची आमदार आनी ESGची उपाध्यक्ष. दिलायला लोबो, ESG चे आदले उपाध्यक्ष दामू नायक, ESG चे सीईओ अश्विन चंद्रू, आयएएस, म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालक दीपक बांदेकर आनी हेर मानेस्ताच्या हजेरीत जालो.

गोंयांत जल्मल्ली आनी हिंदी, मराठी आनी कोंकणी सिनेमांत योगदान दिवपी नामनेची अभिनेत्री, गायिका, मॉडेल आनी समाजीक वावुरपी वर्षा उसगांवकार हिका जीवनगौरव पुरस्कार प्रदान केलो. गोंयांतल्या सिनेमा मळार केल्ल्या योगदाना खातीर सरगेस्त बाबा नायक हांकां गोंयच्या सिनेमा दायजाचे मानेस्त म्हण भौमान दिलो. ह्या काऱ्यक्रमांत फिचर आनी नोन फिचर फिल्मांच्या जूरी वांगड्यांचोय भोवमान केलो.

तिनूय आवृत्त्यांनी सर्वोत्कृष्ट चित्रपटांक पुरस्कार अशे आसात:-

10 वी आवृत्ती (1/1/2018 - 31/12/2019)

उत्कृश्ट फिचर फिल्म - जुझे (१४ पुरस्कार)

11 वी आवृत्ती (1/1/2020-31/12/2021)

उत्कृश्ट चित्रपट - रणसावत (7 पुरस्कार)

उत्कृश्ट बिगर फीचर फिल्म - कुपामछो दर्यो (5 पुरस्कार)

12 वी आवृत्ती (1/1/2022 - 31/12/2023)

उत्कृश्ट फिचर फिल्म - मोग (8 पुरस्कार)

उत्कृश्ट बिगर फीचर फिल्म - गाथन (3 पुरस्कार)

48 वरांच्या लघुपट सर्तीचे विजेते अशे आसात:-

1. उत्कृश्ट चित्रपट पयलें इनाम - फुल आनी सावळी

2. उत्कृश्ट चित्रपट दुसरें इनाम - सुर्योदय जावचे पयलीं

3. उत्कृश्ट दिग्दर्शक - ग्लेन कार्दोझो (फुल आनी सावळी)

4. उत्कृश्ट छायाचित्रण - तेजस व्ही.नायक (फुल आनी सावळी)

5. उत्कृश्ट संपादक - युरी बी कार्वाल्हो (फुल आनी सावळी)

6. उत्कृश्ट अभिनेतो (दादलो) - नीरज आरी (लिफ्ट)

7. उत्कृश्ट अभिनेतो (बायल) - रती भाटीकार (फुल आनी सावळी)

हे पुरस्कार डॉ प्रमोद सावंत, दिलायला लोबो, अश्विन चंद्रू, आयएएस, दीपक बांदेकर, गजेंद्र अहिरे, जूरी अध्यक्ष (फीचर फिल्म), असीम सिन्हा, हयांचे हसतुकी भेटयले

समारोप सुवाळ्याचें मुखेल आकर्शण म्हळ्यार नामनेची गोंयची गायिका सोनिया सिरसाट , गायिका अजीत परब, चला हवा येऊ ध्या फेम भारत आनी मोरे हांणी सादरीकरण आनी वर्धन आनी पंगडाचें सादरीकरण थारलें

गोंयात सिनेमांच्या चित्रीकरणाखातीर लागपी सगळे परवाने दीवपाची प्रक्रीया सोपी करपाच्या हेतान 1 september सांवन single window system clearance system चालीक लायतले अशी म्हायती गोंय मनरिजवण संस्थेची उपाध्यक्षा डीलायला लोबो हीणे ह्यावेळार दील्या.

सायबर १६0

सायबर गुन्यांव पुलीस स्टेशन, राय बंदरात - आयटी कायद्याचे कलम 318, 319 (2), 336 (3) **बीएनएसएस** आनी कलम 66-डी खाला गुन्यांव नोंद केल्लो. ते

प्रमाण 26/12/2024 ते 28/12/2024 ह्या काळांत गोंयच्या शिवोली हांगाच्या मारना हांगा एकत्यान अपुन दिल्ली क्रय्म ब्रान्चीचो अपुन पुलिस निरीक्षक अशील्याचे भासोवन एका बायल मन्षेक तिचे आड पुलिसांनी कागाळ केल्या अशें सांगून , भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या नांवान बनावट पत्रां धाडलीं आनी कागाळदाराक वेगवेगळ्या वेव्हारांत वट्ट ₹1,00,00,000/- रुपया तीन वेगवेगळ्या बँक खात्यांत हस्तांतरीत करपाक लायले. अशे तरेन आरोपींनी संगणक साधनांचो वापर करून कागाळदाराक फटयली .

तपासांत, तंत्रीक आनी अर्थीक विश्लेशण आनी आदीं अटक केल्ल्या आरोपींचे चवकशेचेर आदारीत, सिंगापूरांतल्या 12 मरीना बे फायनान्शियल सेंटर टॉवर-3 हांगा रावपी मास्टरमाइंड अनिल त्रिपाठी हांचे आड लुक आउट सर्कुलर (एलओसी) जारी केलें. एलओसी प्रमाण सिंगापूरांतल्यान आरोपी भारतांत पावतकच अधिकार्यांनी ताका दिल्ली विमानतळार धरलो. ते प्रमाण पी.आय.दीपक पेडनेकर आनी एसपी राहुल गुप्ता, आयपीएस, सायबर क्रायम, रायबंदर-गोवा हांच्या मार्गदर्शना खाला पीएसआय अनिल पोलेकर आनी हेंड कॉन्स्ताब्ल अनय नायक हांच्या फुडारपणा खाला दिल्ली पावलो आनी उपरांत ताका अटक करून ट्रांझिट रिमांडाचेर गोंयांत हाडलो.आणि पाच दिसांची पुलिस कादय दिल्या

स्पोर्टस 30

अग्रमानाकीत देवेश नाईक हाणे राज्य जेष्ठ फिडे अमान्कन बुद्धिबळ अजिक्य पद सर्तीत जैताकडे पावूल घालताना असत पैकी सातुय डाव जीकले बार्देस तालुका बुद्धिबळ संघतने वतीन ही सरत  महाविद्यालयात सुरु आसा

गोय खेळ प्राधिकरण आणि गोय टेनिस बोल क्रिकेट असोसियेशनाचे जेष्ठ प्रशिक्षक हरेश पार्सेकर हांका भारतीय टेनिस बोल क्रिकेट पंगडाचे प्रशिक्षक म्हण वेच्ल्यात. कोलंबो हांगा 20 ते 25 मजगती दुसर्या लंकन वसताड पण ट्रोफी आंतरराष्ट्रीय टेनिस बोल क्रिकेट सर्तीत भारतीय संघ खेळतलो

हवामान 60

गोंयांत 17 आनी 18 ऑगस्टाक उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ताका लागून ह्या दोन दिसां खातीर पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. 19 ते 21 ऑगस्ट ह्या काळांत मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय आसा. ह्या तीन दिसां खातीर यलो अलर्ट जारी केला. शेनवारा गोंयांत किरकोळ पावसाची नोंद जाली. शेनवारा पणजे चडांत चड 30 अंश जाल्यार उण्यांत उणें 26 अंश सेल्सियस तापमानाची नोंद जाली आयतार सकालसावन घोग्यानी पावस पडप चालू आसा